# Akashvani Panaji Goa
## National News
## 8.40am 10.06.24

---

<u>मुखेल खबरो</u>

आपल्या तिसऱ्या कार्यकाळात भारत देशाच्या शांतीकाय, प्रगती आनी समृद्धीखातीर वावूरतलो, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा.

सिक्कीम क्रांतीकारी मोर्चाचे फुडारी प्रेम सिंह तमांग आयज सिक्कीमच्या मुखेलमंत्रीपदाची सोपूत घेतले.

ओडिशात विधीमंडळ पक्ष फुडारी वेचून काडपा खातीर भाजपान केंद्रिय मंत्री राजनाथ सिंग आनी भूपेंद्र यादव हांका केंद्रियनिरीक्षक म्हण नेमल्यात.

काल सांजे जम्मू-काश्मीरात जाल्या आतंकवादी हल्ल्यात 9 जणांक मरण आयले तर 33 जाण जखमी जाल्यात. राश्टपती द्रौपदी मूर्मू हांणी ह्या घडणूकेविशी खर दूख उक्तायले.

आयसीसी संवसारीक कप टी-20 क्रिकेट सर्तीत काल न्यू यॉर्कात जाल्ल्या रोमांचक खेळात भारतान पाकिस्तान पंगडाचेर स धावंड्यानी जैत जोडले.

<u>पी एम वल्ड २००</u>

भारत आपल्या तिसऱ्या कार्यकाळात भारत देशाच्या शांतीकाय, प्रगती आनी समृद्धीखातीर काम क्रस्त रावतलो, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. श्री मोदींनी देशातल्या लोकांमदी आशिल्ले संबंध आनिक घटमूट करपाचे आवाहन केले. काल राती राष्ट्रपती भवनात सोपूतविधी सुवाळयाउपरांत भारताच्या शेजारचे देश आनी हिंद महासागर क्षेत्रातल्या फुडा-यांबरोबर जाल्ल्या भेटीवेळार तांणी ही माहिती दिली. ह्या फुडा-यांचे उपकार मानत प्रधानमंत्री मोदी हांणी शेजारी प्रथम धोरण आनी 'सागर विजन' ह्या भारताच्या वचनबद्धलायेचो पुनरुच्चार केलो. भारत आंतरराष्ट्रीय क्षेत्रात ग्लोबल साऊथचो आवाज बुलंद करत रावतलो अशेंय प्रधानमंत्र्यानी सांगले.

मालदीवचे राश्ट्रपती मोहम्मद मुइज्जू, नेपाळचे प्रधानमंत्री पुष्प कमल दहल 'प्रचंड' आनी श्रीलंकेचे राष्ट्रपती रानिल विक्रमसिंघे हांच्यासयत भारताच्या शेजारचे देश आनी हिंद महासागर क्षेत्रातले मुखेल फुडारी मोदी आनी तांच्या मंत्रिमंडळाच्या सोपूतविधी

सुवाळयाक हाजीर आशिल्ले. बांगलादेशच्यो प्रधानमंत्री शेख हसीना, मॉरिशसचे प्रधानमंत्री प्रविंद कुमार जुगनाथ, भूतानचे प्रधानमंत्री शेरिंग तोबगे

आनी सेशेल्सचे उपराश्ट्रपती अहमद अफिफ हैयी ह्या सुवाळयाक हाजीर आशिल्ले.सोपूतविधी सुवाळयाक ह्या फुडा-यांचो आस्पाव हो हिंद महासागर वाठारालल्या शेजारी देशांबरोबर आशिल्ली भारताची इश्टागत आनी सहकार्याचे खोल संबंद उजवाडाक बेतात अशें विदेश मंत्रालयान सांगले. संवसारीक फुडा-यांनी सेगित तिसरे फावट प्रधानमंत्री जाले म्हूण मोदीं हांका परबी भेटयली अशेंय विदेश मंत्रालयान म्हळे.

ह्या फूडा-यांनी काल राष्ट्रपती भवनात राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी दवरील्ल्या जेवणाचोय आस्वाद घेतलो. भारताची लोकशाय प्रक्रिया ही देशातल्या लोकांखातीर फकत अभिमानाचोच खीण न्हंय तर संवसारभरातल्या कोट्यांनी लोकांखातीर एक प्रेरणा दिवपीय एक खीण, अशें फुडा-यांक येवकार दिताना राश्ट्रपती द्रौपदी मूर्मू हांणी हेवेळार सांगले.

## STORY 120

नरेंद्र मोदी हांणी सेगीतं तिसरे खेपे भारताचे प्रधानमंत्री म्हूण सोपूत घेतलो. काल सांजवेळा राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या सुवाळयांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी मोदी आनी नव्या मंत्रीमंडळाच्या वांगड्यांक पदाचो आनी गोपनीयतेचो सोपूत दिलो. ह्या सुवाळयांत 30 मंत्रीमंडळ मंत्री, पांच राज्यमंत्री (स्वतंत्र प्रभार) आनी छत्तीस राज्यमंत्र्यांनी सोपूत घेतलो. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी राजनाथ सिंग, अमित शाह, नितिन गडकरी, डॉ एस जयशंकर, पीयूष गोयल, धर्मेंद्र प्रधान, निर्मला सीतारमण आनी जगत प्रकाश नड्डा हांणी कॅबिनेट मंत्री म्हणून सोपूत घेतलो.

शेजारच्या देशांतले आनी हिंद म्हासागराच्या वाठारांतले कितलेशेच फुडारी सोपूत विधी सुवाळयाक हाजीर आशिल्ले. उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर, भारताचे सरन्यायाधीश डॉ डी वाय चंद्रचूड आणि काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे हांच्या संयत सयत जायते मानेस्त आनी वेगवेगळया राज्यांचे मुख्यमंत्रीय ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

## सिक्कीम सोपूतविधी - ९०

सिक्कीम क्रांतीकारी मोर्चाचे फुडारी प्रेम सिंह तमांग आयज सिक्कीमच्या मुखेलमंत्रीपदाची सोपूत घेतले गँगटोकच्या पालजोर स्टेडियमाचेर सांजे ४ वरांचेर हो सोपूतविधी सुवाळो जातलो. राज्यपाल लक्ष्मण प्रसाद आचार्य श्री तमांग आनी तांच्या मंत्रिमंडळाक पद आनी गोपनीयतेचो सोपूत दितले. श्री तमांग दुसरे फावट मुखेलमंत्रिपदाची सोपूत घेतले.

सिक्कीम क्रांतीकारी मोर्चान विधानसभेच्या 32 पैकी 31 सूवातांचेर जैत जोडले. सिक्कीम डेमोक्रॅटिक फ्रंटाक फकत एकूच सूवात मेळ्ळी. आघाडीचे अध्यक्ष आनी आदले मुख्यमंत्री पवन चामलिंग दोनूय सूवातेर हारले.

सोपूतविधी सुवाळ्याक लागून गंगटोक महानगरपालिका क्षेत्रातल्यो सगळयो सरकारी आनी खाजगी शाळा, महाविद्यालय आनी हेर शिक्षणिक संस्था आयज बंद आसतल्यो.

## REV. BJP- OBSERVERS ODISHA - 150

ओडिशांत विधीमंडळ पक्ष फुडारी वेंचून काडपा खातीर भाजपान केंद्रीय मंत्री राजनाथ सिंग आनी भूपेंद्र यादव हांकां केंद्रीय निरिक्षक म्हणून नेमल्यात. राज्यांतल्या विधीमंडळ पक्षाच्या फुडाऱ्याचे वैचणुकेचेर देखरेख दवरपा खातीर आपल्या संसदीय मंडळान हे दोग फुडाऱ्यांक वेंचून काडल्यात अशें भाजपान निवेदनांत म्हणलां.

फाल्यां भाजपा विधीमंडळ पक्षाची बसका जावन आपलो फुडारी वेंचपाची शक्यताय आसा. राज्यांतल्या पयल्या भाजपाच्या मुख्यमंत्र्याचो सोपूत घेवपाचो सुवाळो बुधवारा भुवनेश्वरांतल्या जनता मैदानांत जावपाचो आसा आनी ताची तयारी नेटान सुरु आसा. हाचे आदीं पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी आनी खासदार धर्मेंद्र प्रहान आनी जुआल ओराम हांकां मुख्यमंत्री पदाखातीर मुखार आशिल्ले अशें मानताले, पूण काल सांजवेळार दोगांयचोय केंद्रीय मंत्रीमंडळांत आस्पाव जाल्ल्यान ते सर्तीतल्यान भायर पडल्यात अशें म्हणटात. वडील आमदार सुरेश पुजारी आनी केव्ही सिंग देव हांच्या सयत हेर जायतीं नांवां ह्या प्रतिष्ठित पदाखातीर चर्चेंत आसात. 147 वांगड्यांची विधानसभेत पक्षाक 78 सुवाती मेळ्ळयो आनी राज्यांत पयलेच खेपे भोवमत मेळोवन, मुख्यमंत्री नवीन पटनायक हांच्या फुडारपणाखालची बिजू जनता दलाची 24 वर्षांपेक्षा चड काळची सत्ता सोंपली.

जम्मू-काश्मीर हल्लो १३०

जम्मू-काश्मीरच्या रियासी जिल्ह्यातल्या तेरायथ गावालागसार काल सांजे जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्यात यात्रेकरूंना व्हरपी बस खोल दरीबात कोसळ्ळी. ह्या अपघातात 9 जणांक मरण आयलेतर 33 जाण जखमी जाल्यात. कटरालागसार शिव खोरी गुंफा तीर्थक्षेलल्यान ही बस कटरा वताली. रियासी जिल्ह्याचे वरिष्ठ पोलीस अधीक्षक मोहिता शर्मा हांणी दिल्ल्या म्हायती प्रमाण ह्या घडणूकेत बस चालकाला गुळी लागली आनी ताचे बसीवेले नियंत्रण सुटले. जखमी जाल्ल्यांक तेरियाथ, रियासी आनी जम्मूतल्या हॉस्पीटलात उपचाराखातीर दाखल केल्या.

केंद्रीय मंत्री अमित शहा हांणी ह्या हल्ल्याचो निषेध केला. तांणी उपराज्यपाल आनी जम्मू-काश्मीरच्या पुलीस महासंचालकांकडेन उलोवन ह्या घडणूकेची माहिती घेतली. ह्या हल्ल्यात ज्या कोणाचो आस्पाव आसा ताका सोडचे नात, अशे श्री. शहा हांणी हेवेळार म्हळे.

केंद्रीय मंत्री राजनाथ सिंह हांणीय ह्या हल्ल्याचो खर शब्दात निषेध केलो. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणीय ह्या घडणूचो निशेध केला. हो मनीसपणा आड खर गुन्यांव आसा आनी खर शब्दात निषेध केला. राष्ट्रपतींनी जखमींची बेगोबेग बरे जावपाची इत्सा तांणी उक्तायली.

KERALA ASSEMBLY SESSION-125

पंदराव्या केरळ विधानसभेचें 11वें अधिवेशन आयज सुरू जाता. 28 दिसांच्या अधिवेशनांत मुखेलपणान फेब्रुवारींत सादर केल्ल्या 2024-25 राज्य अर्थसंकल्पांतल्या अनुदानाची मागणी करपा विशीं सविस्तर चर्चा करपाचो हेतू आसा. अर्थसंकल्पांतल्या अनुदानाची मागणी चर्चा आनी संमत करपा खातीर अधिवेशनाचे तेरा दीस कुशीक दवरतले. खाजगी वांगड्याच्या वेवसाया खातीर पांच दीस, आनी सरकारी वेवसाया खातीर आठ दीस थारायतले. 11वें अधिवेशन 25 जुलयाक सोंपतलें. केरळ पंचायत राज (दुरुस्ती) विधेयक आनी केरळ नगरपालिका (दुरुस्ती) विधेयक विधानसभा अधिवेशनांत सादर करतले. राज्यांतल्या थळाव्या संस्थांच्या वॉर्डाची मर्यादा घालपा खातीर ह्यो दुरुस्त्यो गरजेच्यो आसात.

मजगतीं, लोकसभा वैचणुकेंत लढोवन जिखपी आमदारांक विधानसभांतली सुवात रिती करपाचो निर्णय घेवपाक 17 जून मेरेन वेळ आसा. सीपीआय (एम) चे SC/ST कल्याण आणि देवस्वोम राज्यमंत्री के. राधाकृष्णन आणि काँग्रेसचे आमदार शफी पारंबिल हाणी लोकसभा वेचणूक लढयली आणि जिंकली.

## हवामान

गोंय, महाराष्ट्र आनी कर्नाटकच्या कांय वाठारात आयज उटंगाराच्या पावसाची शक्यताय आसा. ते मतीत धरुन हवामान खात्यान ह्या वाठारांनी रेड अलर्ट जारी केला.

## क्रिकेट - १००

आयसीसी संवसारीक कप टी-20 क्रिकेट सर्तीत काल न्यू यॉर्कात जाल्ल्या रोमांचक खेळात भारतान पाकिस्तान पंगडाचेर स धावंड्यानी जैत जोडले. पयली फलंदाजी करताना भारतीय पंगडाचो डाव 19 षटकांत 119 धावंड्याचेर सोपलो. ऋषभ पंत हांणे 42 धावंड्यो केल्यो. पाकिस्तानच्या हरिस रौफ आनी नसीम शाह हांणी दरेकी तीन तर मोहम्मद आमिर हांणे दोन गडे बाद केले.

120 धावंड्यांचे मोख पाकिस्तान पंगडा मुखार आशिल्ले. पूण भारतान केल्ल्या बेसब-या गोलंदाजीक लागून पाकिस्तान पंगडाक 20 षटकांत फकत 113 धावंड्योच करप शक्य जाले. जसप्रीत बुमराहने फकत 14 धावंड्यो दित तीन गडे बाद केले. हार्दिक पांड्यान दोन तर अक्षर पटेल आनी अर्शदीप सिंग हांणी दरेकी एक विकेट घेतली. बुमराहक सामनावीर म्हणून घोषित केले.

## फ्रेंच ओपन - ६०

स्पेनच्या कार्लोस अल्काराज हांणे फ्रेंच ओपनचे पयले वस्तादपण जोडलो. काल राटी पॅरिसात जाल्ल्या दादल्यांच्या एकोड्या गटातल्या निमण्या खेळात अल्काराझान जर्मनीच्या अलेक्झांडर ज्वेरेव्हाक ६-३, २-६, ५-७, ६-१, ६-२ अशें हारयले.

रेड ग्रेव्हल, ग्रास कोर्ट आनी हार्ड कोर्ट ह्या तिनूंय मैदानांचेर मुखेल वस्तादपण मेळोवपी अल्काराझ हो सगळयात तरनाटो खेळगडो थारलो.

अल्काराझ हांणे उपांत्य फेरीयेत इटलीच्या जॅनिक सिनराक हारयले तर झ्वेरेव्ह हांणे नॉर्वेच्या कॅस्पर रुड हाका हारोवन निमणी फेरीयेत पावले.

FRANCE SNAP POLL - 90

युरोपिय संसदेच्या मतदानपूर्व सर्वेक्षणात प्रतिस्पर्धी फुडारी मॅरीन ले पेन हाच्या नॅशनल रॅली पक्षाक मेळिल्ल्या व्हड जैताक लागून फ्रेंच अध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांणी फ्रेंच संसद विसर्जीत करपाची घोशणा केल्या. हाचे वांगडाच श्री मॅक्रो-हांणी देशांत बेगीन संसदीय वेंचणूक घेवपाचें थारायला. ही वेंचणूक ह्या म्हयन्याच्या अखेरेक जातली. युरोपीय संसदे खातीर मतदान करपा संबंदीत प्राथमीक सर्वेक्षणांतल्यान दिसून आयलां की विरोधी पक्षाक 32 टक्के मतां मेळपाची शक्यताय आसा, जी राष्ट्राध्यक्ष मॅक्रॉनाच्या रिनासा पक्षाक मेळिल्ल्या मतां परस दुपेटी परस चड आसा. 30 जून आनी 7 जुलयाक दोन फेऱ्यानी मतदान जातले अशें मॅक्रा हांणी सांगलें.